चित-
-ईगी

दामोदर मावजो

8/12/2002

चित्तरंगी

(भुरग्यांल्यो काणयो)

बरोवपी

दामोदर मावजो

जाग प्रकाशन

JAAG PRAKASHAN : 41

CHITTARANGI

STORIES FOR CHILDREN

अंतरराष्ट्रीय भुरग्यांवर्स प्रकाशन : 10

पयली उजवाडावणी : जून 1995

© शैला मावजो

दर्शनी-चित्र आनी भितरलीं चित्रां :

श्री. दिलीप धामस्कार

मोल : रुपये वीस

उजवाडावपी :

सुमन्त रा. केळेकार

जाग प्रकाशन, प्रियोळ,

म्हाड्डोळ, गोंय - 403404.

फोन : 357511

छापणावळ :

रवि ग्राफिक्स

4431/अ, चव्हाट गल्ली,

बेळगांव - 490 002.

फोन : 30209.

उजवाडावचे पयलीं -

भो.दामोदर मावजो हे कोंकणींतले एक म्हालगडे लेखक. कथाकार आनी नवलकथाकार म्हूण तांणी कोंकणी साहित्याच्या मळार भोवमानाची सुवात प्राप्त केल्ली आसा.

चित्तरंगी हें तांणी भुरग्यांखातीर बरयल्लें एक काणयां-पुस्तक. पूर्वील साहित्याच्या आंगवळणान आर्विल्ल्या विशयांचेर बरयल्लें अप्रूप अशें हें एक पुस्तक.

चित्तरंगींत, सुटसुटीत सोप्या आनी नीज कोंकणी उतरांनी सांगिल्ल्यो सात काणयो आसात. ह्या काणयांनीं माकडां आसात; शेवणीं, नुसतीं, शाके आनी हेर फळां आसात.तीं सगळीं भुरग्यांकडेन उलयतात. पुराय आसमंत घडघडावपी झूक झूक गाडी लेगीत अपुर्बायेन उलयता तेन्ना तिची तोखणाय करीन दिसता. भुरग्यांच्या सदच्या जिवितांतले हे वांगडी.तांकां भुरगीं वळखतात पूण तांची तीं इश्टागत करूंक पावतातच शीं नात. ती घडोवन हाडपाचें नकसूद काम मावज्यान तारतम्यान केल्लें आसा.

मावज्यालें हें सुपुल्लें पुस्तक आमचे कडेन आयल्यार वर्सांचीं वर्सां जालीं. पूण उजवाडपाचो योग आयलोना. तो आज आयला. मावज्यांक हावेळे तिश्टत दवरलें हाचें वायट दिसता.

ह्या पुस्तकांतल्या दर्शनी आनी भितरल्या चित्रांखातीर दिलीप धामस्कार हांचे, रवि ग्राफिक्स, बेळगांव हांचे छापणावळी खातीर, आनी उजवाडावपाच्या कामांत जांचो जांचो आधार मेळ्ळा तांचे सगळ्यांचे आमी उपकारी आसां.

प्रियोळ,

उजवाडावपी

15/8/1995

* * *



मांडावळ

1. पिंटू आनी बिंटू ... 1
2. आतां शोभा जेवता ... 12
3. झुकू झुकू यो यो ... 19
4. धवो कावळो ... 30
5. आमलेट आनी पापलेट ... 39
6. विनीलो कीर ... 47
7. नाल्लाक नसाय काळंगाची ... 54

:1 : पिंटू आनी बिंटू

मोलेंच्या रानांत एक माकड रावतालें. माकडाक दोन पिलां ासलीं. एकल्याचें नांव पिंटू आनी दुसऱ्याचें नांव बिंटू. पिंटू ासलो बारकेलो आनी बिंटू आसलो मोटेलो. दोगूय खूब मस्ते. ीसभर हांगा थंय हेडटाले. हुयेली मारीत नाचताले. ह्या झाडा ायल्यान त्या झाडार उडक्यो मारताले. आनी पोटाक उजो ट्टकीर आवयसरीं धांवत येताले.

पिंटू बारकेलो. तो इल्लेशें खातालो. ताका खोडी चड. कसलोय ानस कसो लागता तें पळोवचे पयलींच नाका नाका करतालो. खून तो असो बारकेलो.

बिंटू मोटेलो. खा खा खातालो, भक भक भकतालो. पुरो ळ्यार आयकनासलो. आनीक दी, आनीक दी करतालो. आपणालें

खावन पिंटूलेंय सोंपयतालो. देखून तो असो-मोटेलो.

माकडाक दोगांचोय राग येतालो. कित्याक ? दोगूय सांगिल्लें आयकनात म्हूण. पिंटू कांय खायना म्हूण आनी बिंटू आनीक मागता म्हूण.

एक दीस अनमोडा रावपी माकडाची भयण मोल्यां भयणिचे खबरेक आयली.

माकडान भयणीक सांगलें –
''कसलीं बाये पोरां हीं
एकलोय म्हजें आयकना
भक भक भकता एकलो
दुसरो कसोच खायना -
हुसको म्हाका जाता तांचो
एकलो सामकोच बडकेला
भकून भकून दुसरो पळय
बोबर कसो फोपशेला -

भयणीन मातशें येवजिलें आनी म्हळें -
''भयणी , तूं भियेवं नाका
हांव तांकां सडीक करतां
धाड तांकां अनमोडाक
हांव तांकां देख्र लायतां -''

माकडाक तें मानवलें. ताणें रोखडेंच पिलांक आफोवन हाडलें
ानी सांगलें --

"अनमोडच्यान आयल्या मावशी
भाचरांक अनमोडाक व्हरूंक
वचात तुमी तिचे वांगडा
मावशेगेर दोन दीस रावूंक -"

अनमोडाक वचूंक मेळटलें म्हूण पिंटू आनी बिंटू फुलले.
गांनी दोन लागो मारून म्हळें-

"बेस जालें, बरें जालें,
आमी हेंच सोदताले,
अनमोडाक वचून आमी,
मौज मजा करतले."

माकड दांत दाखोवन हांसलें. आनी ताणें पिलांक शिटकायलीं-

"वचात, वचात, मजा करात.
मावशी सांगता तें मात आयकात
मावशी तुमची बऱ्याक बरी,
रागाक वायट हें मतींत धरात."

शेंपडी तायट करून पिलांनी म्हळें -

"मावशी जें फर्मायता तें
सगळें आमी करतले

शाणे गुणे जातले आमी
शाणे गुणे जातले.- "
मावशेन म्हळें -
"या तर - कळाव नाका
दी भयणी - निरोप म्हाका."
आनी उडक्यो मारीत सगळीं भायर सरलीं.

मुखार मावशी, फाटसून पिंटू आनी बिंटू. ह्या खांद्यावयल्यान त्या खांद्यार, ह्या रुखा वयल्यान त्या रुखार आनी ह्या रानांतल्यान त्या रानांत - अशें करीत तीं सगळीं अनमोडच्या रानांत मावशेगेर पावलीं.

मावशेन पयल्यापयलीं तांकां शिटकायलें
"आज सावन तुमी दोगूय
सांगतां तितलेंय आयकतले,
म्हज्या उतराभायर गेल्यार
व्हड ख्यास्त भोगतले."

पिंटू बिंटून रोखडेंच आं म्हळें आनी दोगूय हेडपाक गेले.
दनपारां मावशेन तांकां जेवपाक आफयले.

दोगूय उडक्यो मारीत आयले. बिंटू फुडें, फाटसून पिंटू.

हातभर लांबेलीं रानवटी केळीं, कुचकुचीत बियो आशिल्लीं कसलीं तरी बोंडां, मुठींत धरूंक जायनात येदीं व्हडलीं पेरां, ते भायर आनिकूय कितलिशींच फळां.

बिंटू फुलली - आज आपूण यतेश्ट जेवतलों म्हूण.

पिंटू येवजीत रावलो - हीं केळीं काय बरीं लागतलीं अशें दिसना. हीं बोंडां आनीक कितें रुचीक आसतलीं ? पेरां कशीं कोण जाणा !

मावशेन दोगांकूय पयस बसयले. दोन पानां घेतलीं. एका एका पानार दोन दोन केळीं, एक एक बोंड आनी अर्द अर्द पेर दवरलें एक पान दवरलें पिंटू मुखार, दुसरें दवरलें बिंटू मुखार, आनी फर्मायलें.

"पान निवळ जावंक जाय
कांय एक सांडूं नाकात
सगळें खावन सोपोवंक जाय
आनीक मात मागूं नाकात -"

पिंटून एक केळें खालें. वायटशें लागलें ना न्हूण दुसरें खालें. पोट भरलेशें दिसलें. बोंडांतल्यो बियो तांबश्यो म्हूण बोंड खालेंना. पेराचो रंग केसरीसो - कशें लागतलें कोण जाणा अशें म्हणून पेर सांडलें.

बिंटून मात बुकू बुकू करून सगळें खावन सोंपयलें. आनी पिंटूल्या पानांत पळयत म्हळें-

"ए पिंटू, तुका नाका ?"

तें आयकून मावशेन दोळे मोटे केले.

"पिंटू, पिंटू, सगळें खाण सोपोवंक जाय."
बिंटू, बिंटू, इतल्यान भूक भागोवंक जाय."
पिंटून रडत म्हळें,
"मावशे, हांव सदांच थोडें जेवतां,"

बिंटून रडत म्हळें,

"मावशे, म्हाका सदांच आनीक लागता."

मावशेन म्हळें -

"अशें ? म्हाका हें कळचें कशें ?"

आतां हें सोंपयात. फाल्यां तुमकां जाय तशें."

पिंटून जाता नज करीत बोंड खालें. बरें लागलें. पेरूय खालें जाल्यार आनीक मागन दिसलें.

बिंटू आनीक मागूंक सोदतालो. पूण मावशेल्या मोटेल्या दोळ्यांक पळोवन भियेलो. आनी फाल्यां आपणाक जाय तशें म्हळ्यार खुब्ब खावपाक मेळटलें हे फायचे आशेर उठलो.

दुसऱ्या दिसा दोगूय जेवपाक आयले. आज मावशेन जेवणाक कालचेपरस चड हाडिल्लें - वीस केळीं, बोंडबाळीं, बोंडां एकवीस, पेरां बावीस, तेवीस तोरां. शिपूलभर बोरां. बिंटूच्या तोंडाक उदक सुटलें.

मावशेन एक चोळखो घेतलो. ताचेर इल्लिशी केळ्याची फोड वाडली, इल्लोसो पेराचो कुडको, बोंडांतल्यो दोन बियो, इल्लेशें बोर आनी धाकटुलें तोर वाडलें. आनी हो चोळखो पिंटू मुखार दवरलो.

"पिंटू शाण्या, पिंटू शाण्या,

तूं जेवपी इल्लेशें

देखून हें वाडलां पळय
तुका जाय तशें"

आनी उरिल्लीं सगळीं केळीं, सगळीं बोंडां, पेरां, तोरां आनी बोरां सगळीं हाडून बिंटू सामकार दवरलीं. बिंटू खूश.

"बिंटू शाण्या, बिंटू शाण्या,

तूं जेवपी चड
देखून तुका वाडलां सगळें
जाय तशें झोड."

दोगूय लागले जेवपाक.

पिंटून केळ्याची फोड खाली. सगळें केळें लेगीत खावं येतालें. बोंडांतल्यो दोनूय बियो खाल्यो. पेराचो कुडको खालो. आंवय ! इतलेंशें खावन म्हूण पोट भरता ? आंबट आंबट तोर आनी आंबशें गोडशें बोर तर भोवच रुचीक. पिंटूच्या तोंडाक उदक सुटलें. इतलें बरें लागलें की ताणे रोखडेंच मावशेक म्हळें -

"मावशे, तोरां - बोरां हाड
पांच पंचवीस आनीक वाड - "

मावशेन दोळे मोटे करून म्हळें -

"तूं सदांच थोडें जेवता,
आज कित्याक चड मागता ? "

मावशेन पिंटूक आनीक बोरूय दिलें ना आनी तोरूय दिलें ना; केळें, बोंड, पेर कांयच दिलें ना. पिंटू बाबडो उपाशींच उरलो. भुकेन रडकुरो परतलो.

बिंटू मात खायत रावलो. एक केळें, मागीर एक बोंड, ताचेर पेर, एक तोर आनी वयर एक बोर. परतून एक केळें, एक बोंड, एक पेर अशें एका फाटसून एक खायत रावलो.

मावशी फुड्यात बसून पळयताली. "आनीक खा, सगळें खा" म्हणटाली.

पांच केळीं, पांच बोंडां, पांच पेरां, पांच तोरां आनी पांच बोरां खावन जायना फुडें बिंटूलें पोट भरलें.

मावशेक बरें मागीत ताणें धेंकर दिलो आनी हांसून म्हळें,

"मोगाळ मावशी, जिवाक जायशी,
पुरो आतां म्हाका, जालों धादोशी."

मावशेन दोळे मोटे करून म्हळें,

"तुका सदां चड चड लागता
आज कित्याक पुरो म्हणटा ?"

बिंटून पोटावयल्यान हात भोंवडायत म्हळें,

"मावशे, पोट भरलें आतां,
उरिल्लें हांव सांजे खातां."

मावशी तापली.

"ना ना ना बिंटू,
तें कांय उपकरचें ना,
हें सगळें सोंपले बगर
हांव तुका सोडचीं ना."

मावशेलो अवतार पळोवन बिंटू भियेलो. ताणें आनीक केळें खालें, आनीक बोंड खालें. जाता नज करीत पेर आनी तोर खालें. वयर इल्लेशें बोर खाता म्हळ्यार पोटाक खुब्ब तट तट मारपाक लागलें.

मावशेन परतून दोळे मोटे करनाफुडें बिंटू लागलो रडूंक.

पिंटू रडटालो, भूक लागल्या तेन्ना आनीक जाय म्हूण.

बिंटू रडटालो, पोट भरलें, आनीक नाका म्हूण.

दोगूय रडरड रडले. रडून रडून दोळे सुजले, तोंड दुखलें, ताळो पडलो.

मागीर मावशेन दोगांकूय म्हऱ्यांत घेवन उपदेश केलो. पिंटूक सांगलें -

"दिता तेन्ना तूं नाका म्हणटा
बरें लागल्यार आनीक मागता
हाचे फुडें मात शाणो जा
आवय दिता तें सगळें खा."

पिंटून हुंडकेत हुंडकेत म्हळें,

“पर्थून अशें करचों ना
पानार कांयच सांडचो ना
पोटभर जेवतलों
शाणो गुणो जातलों.”

मावशेन मागीर बिंटूक सांगलें -

“तूं तर सामको आशाधुशी
पोटभर खावन आनीक खाशी
हाचे फुडें मात शाणो जा
जिवाक जाय तितलेंच खा.”

बिंटून रडत रडत म्हळें -

“पर्थून अशें करचों ना
आनीक आनीक मागचों ना
जाय तितलेंच खातलों
शाणो गुणो जातलों.”

आनी मागीर खऱ्यांनीच पिंटू आनी बिंटू शाणे जाले.

✡ ✡ ✡

: 2 :   आतां शोभा जेवता

शोभाल्या घराक तेंकूनच एक तळें आसलें. त्या तळ्याचे देगेर एक झाड आसलें.

त्या तळ्यांत एक सोबीत नुसतें रावतालें. देगेवयल्या रुखार एक काळोच कावळो रावतालो. नुसत्याची आनी कावळ्याची इश्टागत आसली.

कावळो गांवभर हेडटालो आनी गांवावयल्यो गजाली नुसत्याक सांगतालो. नुसतेंय कावळ्याक तळ्यांतल्यो नविदादी सांगतालें. तळ्यांतल्या नुसत्यांच्या जिविताचें कावळ्याक अप्रूप आसलें जाल्यार गांवांत घडपी तरेकवार गजाली आयकुपाक नुसतें अथरेकतालें.

कावळो एक दीस दिश्टी पडलो ना जाल्यार नुसत्याक हुसको जातालो आनी काऽ काऽ करून साद घालनाफुडें नुसतें बगलेक आयलें ना जाल्यार कावळ्याक सकयलवयर जातालें.

दीसभर कावळो खंयूय आसूं. दनपारच्या कडार तो चुकनासतना शोभाल्या घराकडेन येतालो. कित्याक जाणा ?

शोभा सदांच जेवपा वेळार पिरंगतालें. केन्ना आंबोच जाय म्हूण हट करतालें. जाल्यार केन्ना नुसत्याबगर जेवचें ना म्हूण रडूंक बसतालें.

आवय ताका परिपरीन सांगताली. शोभान पोटभर जेवचें म्हूण ताका काणयो सांगताली. ताका गितां म्हणून दाखयताली. ताका फुसलायताली..

पूण शोभा सदांच पिरंगतालें. आनी आवयचे नदरे आड उंडीभर शीत जनेलांतल्यान भायर उडयतालें. कोणाक सांग ?

आमगेल्या कावळ्याक. तो सद्दां शोभाल्या जेवपाच्या वगतार जनेला कडेन येवन रावतालो. आनी उंडीभर शीत भायर पडलें रे पडलें - झोपय मारून खातालो.

एक दीस खबरो मारतना कावळ्यान ही खबर नुसत्याक सांगली.

"शीत म्हळ्यार कितें तें म्हाका एक दीस दाखय आं !" नुसत्यान कावळ्याक सांगलें.

"बरे भाशेन."

दुसऱ्याच दिसा कावळ्यान चार गोटे हाडून उदकांत उडयले. नुसतें वाटच पळेयतालें. ताणें ते मुटमुटीत खाले. बरेऽ लागले.

कावळ्यान अशे दोन चार फावटी शितागोटे हाडून नुसत्याक खावयले. आनी गोटे हाडिल्ले खेपेक शोभाची पोटभर तुस्त केली.

शोभा अशें बरें, तशें बरें, हें सगळें आयकून नुसत्याक उमळशीक लागली. ताणें कावळ्याक म्हळें,

"कावळे बाब, त्या शोभाक एक दीस हाडून दाखय रे म्हाका !"

"ना गो बाये ! शोभाक तागेली आवय तळ्याकडेन कशीच धाडपार ना." कावळ्यान खरें तें सांगलें.

"म्हाका त्या शोभाक पळयन शें दिसलां रे !"

नुसत्यालीं उतरां आयकून कावळ्यान ताका फुसलायलें,

"पळोवंया ! एक दीस हांवूच तुका घेवन वतां थंय."

दुसऱ्या दिसा सकाळीं कावळो उडलो आनी बद्द शोभाल्या घरा कडेन आयलो. थंय पळय जाल्यार शोभाल्या घराभायर एक व्हडली बालदी आसा आनी तातूंत उदक भरिल्लें आसा.

कावळ्यान वचून नुसत्याक सांगलें.

"मेमें बाय, मेमें बाय, शोभाल्या घराक तेंकून एक बालदी आसा. ते बालदेंत उदक आसा. तूं येता जाल्यार हांव तुका व्हरतां आनी त्या उदकांत व्हरून सोडटां. तूं शोभाक पळय बिळय. मागीर हांव तुका आशिल्लें तशें परतें हाडूंन तळ्यांत सोडटां. जाता मगो ?"

“जाता तर ! हांव पेंवन फातरी कडेन येतां. तूं धडेर बसून अळंग म्हाका चोंचींत धर.”

“यो तर !” कावळ्यान म्हळें.

झोपय मारून कावळो फातरीचेर देंवलो. नुसतें पेंवन बगलेक येना फुडें कावळ्यान ल्हवूच ताका चोंचीन उबारलें. आनी पांखां फांकारून कावळो उडलो.

उदकांत रावपी नुसतें उदकाभायर सरनाफुडें घुसमटपाक लागलें. शोभाक पळोवचे पयलींच जीव वचत म्हूण तें भियेलें.

नुसतें फडफडटा तें पळोवन कावळ्यान सडसडीत पांखां वावुडलीं. आनी रोखडोच तो शोभाल्या घरालागीं पावलो.

कावळ्यान अळंग नुसत्याक ते बालदेंत सोडलें आनी तो

पांखां वावडीत माडार वचून बसलो.

उदकांत पावना फुडें नुसतें तुटमुटीत जावन पेंवपाक लागलें. आनी उमळशिकेन शोभाची वाट पळोवपाक लागलें.

शोभा आजय जेवपाक पिरंगतालें.

"आगो, जेव गो पापणी !" आईन ताका फुसलायलें.

"ऊंऽ ऽ ऽ, म्हाका मेंमें जाय." शोभान पोले फुगयले.

"आतां खंयचें ? आज बाबा घराच आसा. फाल्यां हाडटां. आतां जेव गो, बाय ! बाय शाऽ णें म्हजें."

"ऊंऽ ऊंऽ ऊऽ हांव हातान जेवतां." शोभान आवयक सांगलें. आवय कुशीक गेली. आनी आईलो दोळो नासो पळोवन शोभान बचकभर शीत कावळ्याक शेंवटिलें.

कावळो झोपय मारून देंवलो आनी चोंचींत इल्लें शीत घेवन तें व्हरून बालदेंत उडयलें. नुसत्यान तें मुटमुटीत खालें. मातशें रावन कावळ्यान आनिकय चार गोटे व्हरून नुसत्याक दिले. आनीक थोड्या वेळान परतून.

कावळो परतून परतून वचून ते बालदेचेर बसता तें पळोवन शोभाक अजाप जालें.

जेवण थंयच सोडून शोभा भायर सरलें आनी बालदेसरीं गेलें. पळय जाल्यार कितें सांगूं ? ... जिवें पिटपिटीत नुसतें ! आनी दिसता तरी कितलें सोबीत ! सूर्याचीं किर्णां नुसत्याच्या रुपेरी

ंगार पडून लिकी लिकी जातालीं. शोभा अजापान आनी खोशयेन ळ्यतच उरलें.

शोभाक पळोवन नुसतेंय खुश्शाल जालें. आनी खोशी उक्तावपाक ा इल्याशा उदकांत तिटतिटें कशें नाचपाक लागलें -

सूर्रर - सर्रर - फर्रर करून वयर सकयल पेंवपाक लागलें.

"शोभाऽ, आगो भायर पावलें ?"

आईन उलो मारनाफुडें शोभा धांवलें.

"आई, आई, भायर पळय. बालदेंत नुसतें आसा."

आईन म्हळें, "पिशें ! नुसतें दरयांत आसता. बालदेंत ा."

"खरेंऽ आई, काय बरें नुसतें ! आनी दोळे कशे पिटपिटायता !

पळय नाजाल्यार.'' आनी शोभा आईचो हात धरून ओडीत तिका घेवन बालदेसरीं आयलें.

जिवें नुसतें पळोवन आईकूय भोव अजाप जालें.

"बरें जालें ! नुसतें जाय म्हूण तूं जेवतना रडटालें मगो ? आतां हें -''

शोभान आईक आडायली.

"ना आई ! हांव आतां रडचें ना. हें जितें नुसतें. तें म्हाका खेळपाक जाय. आमी ताका घरांत पोसुंया . . . सुणें - माजर आसता तशें.''

[illegible] ळ आयकून शोभालो बाबा भायर आयलो. नुसतें पळोवन ताकाय अजाप जालें. शोभालो हट आयकून ताका सटकरून येवजलें. ताणें कळाव केलो ना. बाजारांत गेलो. आनी एक सोबेचें नुसतें घालतात तसली हारशाची एक शोकेस घेवन आयलो. तातूंत उदक भरलें. आनी बालदेंतलें नुसतें ल्हवूच ते शोकेसींत घालें.

सगळ्यांनी खोशयेन ताळयो पेटल्यो.

ही शोकेस शोभान आतां जनेलाकडेन दवरल्या. कावळो सद्दां दनपारचो जनेलाकडेन येवन नुसत्याकडेन गजाली करता. आनी शोभा चुकनासतना ताका शिता उंडी उडयता.

शोभा आतां आदले भाशेन पिरंगना.

तें आतां नुसत्याक पळयत बुकबुकीत जेवता.

✡ ✡ ✡

:3: झुकू झुकू यो यो

शानालें घर कांसावलेच्या स्टेशनाक तेंकून आसलें. कितल्योशोच झुकू झुकू गाडयो शानाल्या घरामुखावयल्यान येताल्यो, रावताल्यो भानी वेताल्यो.

गाडी आयली रे आयली - शाना धांवत येवन दारांत उबो रावतालो. झुकू झुकू करीत गाडयो शानाक खबरी सांगताल्यो. भानी कूडक् कूडक् करून ताका आफयताल्यो. पूण शाना बगलेक वचनासलो. कित्याक तर आवयन ताका सांगिल्लें, गाडये कडेन लागीं वचूं नाका म्हूण.

शानालो डॅडी आज वास्को गेल्लो. वतना बसीन गेल्लो. येतना गाडयेन आयलो. घरांत भितर सरनाफुडें डॅडीन आपणाल्या पुताक ..लो मारलो.

"शाऽ नाऽऽ"

ताचें नांव हरशीं सेविओ. पूण डॅडी आनी ममी मोगान ताका 'शाना' म्हूण उलो मारतालीं.

डॅडीलो उलो आयकून शाना धांवत भायर आयलो.

"डॅडी, म्हाका कितें हाडलां ?"

डॅडीन शानाक उखलून घट्ट धरून ताचो उमाव घेतलो आनी म्हळें, हें घे. ही पापी. हाडल्या तुका - "

"ऊंऽ ऊंऽऽ" शानान पोले फुगयले.

डॅडीक सटकरून उगडास जालो. बोल्सांत हात घालून ताणें गाडयेची तिकेट भायर काडली.

"ही घे तिकेट. तुकाच हाडल्या."

तिकेट पळोवन शानाक खोस जाली.

"ही तिकेट खंय वचपाची डॅडी ?"

डॅडीन शानाले फाटीर थापटीत म्हळें, "बॉम्बे ! तूं वयतलो मरे ?"

शाना खुश्शाल जालो. झुकू झुकू उलोवपी गाडी ताका आवडटाली. तांतले तातूंत दनपरां भोव म्हळ्यार भोवच मानवताली. ते गाडयेचे ड्रायव्हर - गार्ड लेगीत काय बरे ? शाना दिश्टी पडटकीर ताका सद्दां हात दाखयताले. बॉम्बे ट्रेनीन वचचें,

भोंवचें अशें शानाक कितल्याशाच फावटी दिसतालें. आज डॅडीन तिकेट दिनाफुडें शाना खूब खोशी जालो.

सकाळीं उठनाफुडें ताणें ममीक विचारलें, "ममी, बॉम्बे वचपाची गाडी केन्ना येतली गे ?"

"दनपरां जेवले उपरांत -" ममीन सांगलें.

"हांवें तेच गाडयेर वचपाचें मगे ?" ममी काम करताली.



तिणें 'हय' म्हळां अशें शानाक दिसलें आनी तो खोशयेन खेळपाक गेलो.

जेवण बेगीन जालें. शाना सडसडीत जेवलो आनी खेळूंक गेलो.

खेळटां खेळटां गाडी आयली.

बॉम्बे ट्रेन !

"शाऽ नाऽ, ये नाऽ ?" झुकू झुकू करीत गाडयेन विचारलें.

"राव, ममीक सांगतां आनी रोखडो येतां." शाना घरांत वचपाक घुंवलो. इतल्यान गाडयेन पिल्लूक मारली.

"कूऽ कू"

"रोखडो येतां." शानान दारांतसून म्हळें.

"कूऽ कू कूऽ कू" गाडयेन परथून ताका शिटकायलो. "वेळ जातलो. बेगीन यो."

गार्डाक गाडयेचो राग आयलो दिसता. ताणे 'फिर्र फिर्र' पिल्लूक मारून गाडयेक तापयली आनी पाचवो बावटो दाखयलो.

शाना तसोच धांवलो गाडये कडेन.

"कूऽ कुकूऽ क्क" गाडयेन ताकीत मारली. शाना सडसडीत एका डब्यांत भितर सरलो.

झुकू झुकू करीत गाडी सुटली.

शानालें घर फाटीं फाटीं गेलें. एक एक घर फाटीं फाटीं वचूंक लागलें. झाडांपेडांक फाटीं घालीत गाडी घडघडीत धांवपाक लागली.

एक स्टेशन आयलें. दुसरें आयलें. एका फाटल्यान एक स्टेशन येत रावलें. गांवाचे गांव फाटीं पडपाक लागले.

स्टेशन येतकीर कोण देंवताले, खुबशे चडटाले. जाणटे, नेणटे, बायलो तशे दादले. आनी तांचेबराबरचीं भुरगीं ... कोण कोंकणी उलयताले, कोण मराठी, कोण हिन्दी जाल्यार कोण कानडी - थोडे तर इंग्लेजच तापयताले .. सगळी मजाच मजा.

वाटेर एक मनीस 'चणेऽ भिगणांऽऽ शेंगा ऽऽ गरऽ म' असो बोवाळ मारीत डब्यांत भितर सरलो.

कोणे चणे घेतले, कोणे भिकणां घेतलीं. शानाल्या शेजराकच एकली बायल बशिल्ली. मोटेलीच. कापड न्हेशिल्ली. कपलाक कॅरमाचे घुलेयेदो कूकूम लायिल्लो. आनी सोलनाशिल्ल्या नाल्लायेदो आंबाडो घाल्लो. तिणें भिकणां घेतलीं आनी शानाकूय घे म्हळें. शानान नाका म्हळें. पूण तिणेन बळयां ताच्या हातार दवरलीं. हुनहुनीत भिकणां शानान कुडूम कुडूम करीत खालीं. बरींऽ लागलीं.

कुळ्यां पावतकीर चेकर आयलो. "तिकेटी दाखयात." चेकरान फर्मायलें. . सगळ्यांनी तिकेटी दाखयल्यो. शानानूय डॅडीन दिल्ली ती तिकेट भायर काडून हातांत धरली. चेकरान सगळयांल्यो तिकेटी

तपासल्यो. शानां भुरगो सो पळोवन ताका मात विचारलेंच
चेकर फुडें गेलो.

मुखार पावतकीर मदींच गाडी बिळांत गेल्लेवरी बोगद्यां
भितर सरली. डब्यांत काळोख जालो. शाना भियेलो. ताका दिसले
गाडी वाट चुकली. इतल्यान कुशिचे ते बायलेन शाना भियेला
पळोवन ताका बगलेक घेतलो. भर दिसाउजवाडे किट्ट काळो
जाल्लो पळोवन शाना बरोच भियेल्लो. पूण ते बायलेन घट धर
फुडें शानाक धीर आयलो.

इतले म्हणसर गाडी बोगद्यांतसून भायर आयली. उजवाडा
डबो भरलो. शानान तकली भायर घालून फाटीं पळयलें. आरेच्चा
दोंगराक बुराक करून वाट केल्या तर !

'कूऽ कूऽ कू' गाडयेन शानाक विचारलें 'भियेलो रे
शाना हांसलो.

"आतां हांव भियेवंचो ना." ताणें मतींत म्हळें. आ
खऱ्यांनीच फुडें ताका आनिकूय बोगदे लागले तरी तो मातलेगी
भियेलो ना.

वाटेर घसो घसो करून नेटान पडपी उदकाचो व्हडलो घो
मात शानाक खुबच मानवलो. उडक्यो मारीत देंवपी उदक आ
धवो फुल्ल फेणेर ! दुदाचो घोगो कसो दिसतालो. कोणेत
म्हळें, "हो दूदसागर !"

फुडें गाडी घांटार पावली. तीं पातळ घरां आनी दाट रानां पळयतां पळयतां शानाक न्हीद लागली.

जाग येतकीर पळय जाल्यार रात जाल्या. बगलेक ममी ना आनी डॅडीय ना तें पळोवन शानाच्या पोटांत कुळकुळपाक लागलें. आतां ताका भुकूय लागिल्ली. सद्दां सांजची ममी ताका दूद पियेवंक दिताली. आनी डॅडी येतकीर बिस्कुत्यो दिताली. रातचो काळोख जायनाफुडें तो जेवतालो. . आज तांतलें कांयच मेळूंक नासलें.

बऱ्याऽ वेळान जण एकल्यान आपापणाली भुती सोडयली. कोणे मारमीट हाडिल्लें. कोणे फोलिणांतल्यान खाण हाडिल्लें. जाल्यार कोणें बेठ्यो पोटल्यो बांदून हाडिल्ल्यो. कोणे शीतकडी हाडिल्ली. कोणे चपात्यो हाडिल्ल्यो. जाल्यार कोणे उंडे तांतयां हाडिल्लीं.

तांकां खातना पळयतकीर शानाल्या पोटाक चडच उजो पेटलो. मागपाक लजशी ! वग्गी आयलों एकलो ! ममी आशिल्ली जाल्यार काय बरें जातासलें. डॅडी आशिल्लो जाल्यार स्टेशनाचेर पावतकीर च्या आनी पाव तरी हाडटलो आसलो.

“बेटाऽ” ते शेजारचे बायलेन शानाक उलो मारून कितें तरी विचारलें. पूण शानाक तिगेली भास समजली ना. मागीर तिणें कुरवेनच ताका ‘खावपाक जाय’ काय विचारलें.

हरशीं कोणेंय घे म्हळ्यार शाना नाका म्हणटा. ममीन ताका शिकयलां तशें. पूण आतां पोटा भुकेर ताणें रोखडेंच 'हय' म्हळें.

तिणें लोणी सारयिल्लो उंडो काडून शानाक दिलो. शानान तो बुकू बुकू करून सोंपयलो. वयर उदक पियेलो. पोट भरलें.

शानाक न्हीद येताली. पूण सद्दां ममीचे कुशींत न्हिदपाची संवंय जाल्ल्यान आतां न्हीदच येना जाली. ह्या सगळ्या परकी लोकांमदीं आपूण शेणलो बी ना मू असो शानाक दुबाव आयलो. ममी डॅडीची याद आयली आनी शानाक रडूं येवपाक लागलें.

"बॉम्बे केन्ना पावतली ?" शानान एकल्या कोंकणी उलयतल्याक विचारलें.

"फाल्यां. आतां पयलीं मिरजे. थंय दुसरे गाडयेंत बसप. मागीर फाल्यां बॉम्बे."

ती जाप आयकून शानाक चडच रडूं येवपाक लागलें. ताका दिशिल्लें, ट्रेनीन गेल्यार रोखडो बॉम्बे पावतलो आनी रात जावचेपयलीं घरा परततलो.

तेवटेन शानालो डॅडी सांजचो घरा येवन पळय जाल्यार शाना घरांत ना. ममी सोदता, डॅडी सोदता. शेजारी लेगीत शानाक सोदीत भोंवपाक लागले. डॅडीन पोलिसांकूय वचून सांगलें. पोलीसूय

शानाक सोदूंक लागले. रातभर कोण न्हिदलो ना. ममी तर रडुंकच लागली-शान शेणलो म्हूण.

हेवटेन गाडी मिरजे पावनाफुडें सगळे लोक देंवले. शाना रडटा तें आयकून गाडयेन म्हळें, "कुऽ कू ! रडूं नाका असो. आमी आतां मिरजे पावलीं. मागीरसर परतीं या घरा." शानाक सू जालें.

सगळे देंवले आनी गाडी रिती जाली. शाना एकलोच उरलो डब्यांत. ताका भिरांत दिसपाक लागली.

इतल्यान एकलो मानाय आयलो. ताणें कानडी भाशेंत शानाक कितें तरी विचारलें. शाना भियेलो. वग्गी रावलो. त्या मानायान शानाक हाताक धरलो आनी सकयल देंवयलो. हाताक धरून ओडीत प्लॅटफॉर्माच्या दुसऱ्या पोंतार व्हरपाक लागलो. शानान जिवाच्या आकांतान हेवटेन तेवटेन पळयलें. कोणच वळखिचो दिश्टी पडनासलो.

इतल्यान ते गाडयेच्या इंजिना कडेन पावले. इंजिनान ताका 'शूत शूत' केलें. तेवटेन पळय जाल्यार इंजिनांत एक ड्रायव्हर आसलो. शाना ताका जुस्त वळखलो. सद्दां शानाक हात दाखोवपी होच तो ड्रायव्हर.

ड्रायव्हर शानाक वळखलो. ताणें बेगबेगीन देंवन शानाक म्हऱ्यांत घेतलो. तें पळोवन तो मानाय शेंपडी तुटसर धांवलोऽ धांवलो.

शानान ड्रायव्हराक सगळें सांगलें.

ड्रायव्हरान म्हळें, "कांय भिये नाका तूं शाना. हांव तुका घरा पावयतां."

आनी मागीर शाना इंजिनांत बसून परतो घरा येवपाक भायर सरलो.

ड्रायव्हराचें नांव अब्दूल ! वाटेर अब्दुलान ताका तरेतरेच्यो खबरो सांगल्यो. भोंवडेच्यो, खावडिच्यो, गाडयेच्यो आनी कामाच्यो इंजिनाच्या पोटांत उजो घणघणटालो. फायरमेन तातूंत आनिकूय कोळशे घालताले. ताणें कोळशे घालतां घालतां शानाक पदां म्हणून दाखयलीं. ड्रायव्हरान शानाक पिल्लूक मारपाक शिकयली. आनी शानान वाटेर कितल्याशाच फावटी 'कु ऽ कू कुऽ कू ! अशी पिल्लूक मारून मारून गाडयेक हांसयली.

शाना झेतान इंजिनांत बशिल्लो. पिल्लूक मारतालो. लोकांक दिसलें शानाच गाडी चलयता. वाटेवयलीं सुकणीं, सुणीं, गोरवां - सगळीं अजापान शानाक पळयतालीं. झुक झुक झुकू झुकू खबरी सांगीत गाडी सदांपरस चड नेटान धांवताली. मजा मजा करीत शाना परतो आयलो.

"आतां फुडल्या स्टेशनार तुगेलें घर. " अब्दुलान सांगलें.

डॅडी-ममीच्या उगडासान शानालें हड्डें भरून आयलें. केन्ना काय घरा पावल्यार पुरो अशें जालें ताका.

गाडी थारना फुडें शाना देंवलो. आनी बद्द घरा धांवलो. ममी रडटाली. डॅडी कपलार हात घेवन बशिल्लो, शाना शेणलो म्हूण. शाना आयिल्लो पळोवन दोगांयनी धांवत येवन ताका वेंगेंत घेतलो. ममी पापी घेत सुटली. डॅडी थापटीत रावलो. आनी शानान दोगांकूय घट्ट वेंग मारली.

✡ ✡ ✡

: 4 : धवो कावळो

कावळे खूब आसतात. आनी सगळेच किट्ट काळे आसतात. पूण सगळेच हुशार आसतात अशें न्ही.

हे काणयेंतलो कावळो मात तकलेन फीन. बुदवंत. मनांत आयलें जाल्यार तें काम केलेबगर रावपी न्ही.

सद्दां सकाळीं हो कावळो खावड सोदूंक भायर सरतालो तेन्ना वाटेर ताका एक देवूळ दिश्टी पडटालें. त्या देवळासामकार एक धवोफुल्ल दीपस्तंभ आसलो. आनी ताचेर कितलेशेच पारवे रावताले.

कावळ्याक त्या पारव्यांचें अप्रूप दिसतालें. ते धवेफुल्ल पारवे पळयतकीर कावळो जातालो खंती. हे सगळे काय बरे धवे फुल्ल दिसतात. आनी हांवच कित्याक असो काळो !

खावड फैदा करूंक कावळो दीसभर भोंवतालो. हांगाथंय हेडटालो. इल्लें इल्लें चोंचतालो .... जाल्यार ह्या पारव्यांक मात सगळें आयतें मेळटालें. भट तांकां तांदूळ गंव शिंवरताले. देवाभेटेक येवपी लोक तांकां चणे चिरमुल्यो घालताले. ल्हान भुरगीं लेगीत पारवे लागसार येवचे म्हूण हातांतलो भोबो खोशयेन तांकां दितालीं.

कावळ्यांक मात सगळेच धांवडायताले. जाणटे फातर मारताले, बायलो हर्त करून भेश्टायताल्यो जाल्यार भुरगीं हाताक मेळत तें कावळ्याचेर शेंवटितालीं.

हें सगळें चिंतून कावळ्याक दिसलें, आपणें पारवो जावचें.

एक दीस ताणें एका पारव्याक विचारलें.

"पारव्या, धव्या पारव्या,

काळो हांव कावळो -

जायन म्हाका दिसता

धवो धवो पारवो

सांग म्हाका गुपीत कितेंय

जावंक हांव धवो !"

पारव्यान तकली खरपून म्हळें,

"तूं तर काळो



देखून तूं कावळो

हांव पळय धवो -

देखून हांव पारवो -

जा धवो, जा धवो, जा धवो"

अशें सांगून पारवो पांखां फांकारून उडून गेलो - घू घू घू
करीत.

कावळ्यान येवजून येवजून पळयलें.

फातरीर आंग घांसून धवो जावपाक गेल्लो कावळो कसो
रगत येवन मेलो तें ह्या कावळ्यान आयकल्लें.

शाबू लावन धवो जावपाक गेल्लो त्या कावळ्यालो शाबू

ाळो सोंपून गेल्लो हेंय तो जाणा आसलो.

तेन्ना असलीं अबुद्दीपण करिनासतना धवो कसो जातलो चोच तो विचार करीत रावलो.

एक दीस कितें जालें ?

कावळ्याचो घोंटेर आशिल्लो थंयच्यान लागींच एक इगर्ज ासली. इगर्जेक रंग काडपाक पिंतारी आयिल्लो. लागशिल्ल्या डार बसून कावळ्यान पळयलें -

पिंताऱ्यान एका लातांत चुनो कालयिल्लो. तातूंत तो ब्रश ड्यतालो. आनी ब्रश वणटीक घांसनाफुडें वणत धवीफुल्ल जाताली.

कावळ्याक सट्ट जालें-होच ब्रश आपणाक घांसल्यार आपुणूय ारो जावचो ना ?

विचार तकलेंत आयलो मात-कावळ्यान थारायलें. तो थंयच रावलो. दनपारचीं इगर्जेचीं बारां वाजनाफुडें पिंताऱ्यान काम बंद केलें आनी तो जेवपाक गेलो.

कोण बगलेक नाशें पळोवन कावळो त्या लाता कडेन गेलो. लातांत चुनो भरिल्लोच आसलो. तेंकूनच ब्रश आसलो.

कावळ्यान ल्हवू ब्रश चोंचीन उबारलो. खूब जड लागलो. जाता नज करून ताणें तो चुन्यांत बुडयलो. आनी वयर उखलपाक वतालो इतल्यान ब्रश चोंचींतसून सुटलो आनी लातांत पडलो. पडलो तोच बुडलो आनी पोंदाक गेलो.

निर्शेवन कावळो लाताचे धडेर बसून बाग घेवन पळोवपाक लागलो. म्हणसर बाबड्याचो पांय घुसपलो आनी तोल वचून कावळो आख्खोच त्या चुन्याच्या लातांत पडलो. बुडलो. जिवाच्या आकांतान कावळ्यान पांखां वावुडलीं आनी तळाक वचचे पयलींच वयर सरलो.

नाका तोंडांत चुनो गेल्ल्यान घुसमटिल्लो कावळो सूंक सूंक करीत खरशेत खरशेत उडत येवन माडाचे तेंगशेर बसलो. खूब भियेल्लो. पांखां बी जडशीं लागतालीं. आंग सगळें दाटदाट जाल्लें.

पांखापोंदा खरजलें म्हूण ताणें उजवें पांखटें उबारून चोंचीन खरपुपाक म्हूण तकली घुंवडायिल्ली मात - कावळ्यान पळयलें पांखटें धवेंफुल्ल जाल्लें. दुसरें पांखटें पळय जाल्यार तेंय तशेंच धवें.

ारिकसाणीन सगळें आंग नियाळीत जाल्यार पिसान पीस आनी हंवेन ल्हंव धवी जाल्ली. म्हळ्यार सगळो कावळो गोरो पिठ्ठ, वो फुल्ल जाल्लो - पारव्यावरी.

कावळो अजापभरीत जालो आनी खोशयेन फुल्लो. खुशालभरीत नावन उडलो तो बद्द पारव्यांसरीं आयलो. धव्याफुल्ल कावळ्याक ळोवन सगळ्या पारव्यांक अजाप जालें. पांखां वावडून तांणी ोटो बोवाळ केलो. हरशी थंड आनी शांत रावपी पारव्यांलो ोवाळ आयकून देवळांतले भट आनी भोंवतणचे लोक धांवत आयले.

कावळ्यान पारव्यांक म्हळें,

''पळयात पारव्यांनो, जालां हांव धवो.

तुमचेवरी आतां हांव, धवोफुल्ल पारवो.''

पारव्यांक कितें उलोवचें तेंच कळना जालें. धव्या कावळ्याक कितें म्हणचें तें कोणाकच खबर नासलें.

कावळ्यान आपणालो फुडलो विचार सांगून उडयलो -

''किट्ट काळ्या कावळ्यांमदीं

आतां हांव सोबचों ना.

माडावयल्या घोंटेरांत हांव

हाचेफुडें रावचों ना.

तुमचे मदीं भोंवतलों

धवोफुल्ल पारवो कसो

दीपमाळेर रावतलों''

हेवटेन धव्या कावळ्याक पळोवपाक खूब गर्दी जाली.

भटांनी गांवार घालें.

गांवांतल्यांनी शारांत खबर धाडली.

खबरेकार येवन कावळ्याचो फोटो काडून घेवन गेलें.

पेपरांत फोटोसयत खबर छापून आयली.

पेपरांतली खबर वाचून हज्जारांनी लोक देवळाकडेन येवपाक लागले.

जात्रेक जाता ताचेपरस चड खेट जावपाक लागली.

भजपी लोक म्हणूंक लागले - देवाचो चमत्कार ! देखून काळो कावळो धवो जालो.

कावळो आतां दीपस्तंभाचेर झेतान रावपाक लागलो. ताका आयती खावड मेळपाक लागली - भटाले तांदूळ-गंव, लोकाले चणे चिरमुल्यो आनी भुरग्यांलो भोबो - सगळें आपसूक मेळपाक लागलें.

कावळो चडसो घुमटाचेर वचून बसतालो. मनांत मारल्यार पासयेक वतालो. तो वयल्यान भोंवडी मारतालो तेन्ना आयल्य पयल्यान सगळें विपरीत घडटालें.

तो वयल्यान उडटालो तेन्ना सकयल लोक तकली वयर
रून चलताले. मागीर एकामेकांक आपटताले. सायकली सायकलींचेर
डटाल्यो. मोटारसायकलकार मारग सोडून शेतांत पावताले. मोटरकार
ावळ्याक पळयताले आनी मागीर मोटारी झाडांचेरं - घरांचेर
डम्म करून आपटताल्यो. थोडे न्ही घातअपघात ! एक दीस
र माळयेवयलीं दोन भुरगीं तकली भायर घालून वयर कावळ्याक
ळयतालीं, तीं वयरसून सकयल पडलीं.

धव्या कावळ्याची नामना संवसारभर पातळ्ळी. टुरिस्ट
ोंवडेकार येवन कावळ्याचे फोटे घेवन वताले. सिनेमकारांनी
वन कावळ्याचेर सिनेमलेगीत काडलो. भायल्या देशांतल्यान -
मेरिकेच्यान, जपानाच्यान - लोक मुजरत येवन धव्या कावळ्याक
ळोवन खरेंपण करपाक लागले.

कावळो आतां गर्वान फुगलो. कावळ्यांक तो पयलींच लेखनासलो.
ातां तो पारव्यांकूय झेत सांगपाक लागलो. व्हडल्यो बडायोच
ारपाक लागलो. आपूण घुमटारच रावपाक लागलो. कोणूय बगलेक
ायल्यार ताका चोंचपाक लागलो, मारपाक लागलो. पारवे बाबडे
ंड सभावाचे. तांकां झगडीं मातलेगीत मानवनात. कावळ्यान
ितलेंय कांकां केल्यार ते घू घू लेगीत करिनासतना सोंशीत रावले.

आनी एक दीस कितें जालें ?

जात्रेदिसांची खबर. जात्रे निमतान कावळ्याकूय पळोवपाक
ळटलें म्हूण खूब गर्दी जाल्ली जात्रेक. व्हडली फेरी भरिल्ली. आनी

जात्रेकारांची देवळाभोंवतणी आकांताची खेट जाल्ली. कावळो मार नेटान येवन घुडाचेर बशिल्लो.

दमळ जाल्लें. मदीं मदीं गडगडटालें. म्हणसर मळब कुपांनी गच्च भरलें आनी अकस्मात–

व्हडलो गडगडो आयलो आनी घोऽ करून पावसाची व्हडली दडक आयली. घुडाचेर बशिल्लो कावळो पावसान चिप्प भिजलो. आनी -

आनी कितें सांगू ? सगळो चुनो व्हांवन गेलो आनी धवो कावळो आशिल्लो तसो काळो जालो.

घू घू घू करून सगळे पारवे हांसपाक लागले.

कावळो काळो जाल्लो लोकांनीय पळयलो. लोकांनी व्हडलो बोवाळ केलो.

कितें जालां तें पळोवपाक म्हूण कावळ्यान तकली घुंवडायिल्ली. आपणालीं काळीं पांखटां ताणे पळयलीं मात, खिणांत ताका कितें जालें ते कळ्ळें. लजेन तो आनिकूय काळो जालो.

जड जावन तो उडलो. आनी पांखटां हालयत उडत उडत पयस गेलो.

कोणेच धवो कावळो पळयलो ना.

तुमी पळयला ?

✡ ✡ ✡

: 5 : आमलेट आनी पापलेट

वसंताक घेवन बाबा शारांत गेलो. वसंतान येदें व्हडलें शार ...न्नाच पळोवंक नासलें. तो सामको अजापून गेलो.

तीं पांच पांच माळयांची घरां .... मार्गा वयल्यान धांवपी ...रेक तरांचीं धांवतेरीं.

ताकतिकेन हेवटेन तेवटेन वचपी लोक ....

आनी तरेकवार मालाचो विकरो करपी ल्हान व्हड पसरे ..

हें सगळें पळोवन वसंताले बोरा येदे दोळे पेरायेदे जाले.

हे लुटींत आपूण शेणत म्हूण ताणें बाबाल्या बोटाक घट ...धरिल्लें. वाटेर तो आपणाले दुबाव काडपाखातीर तरेतरेचे प्रस्न ...विचारतालो आनी बाबा तागेल्या प्रस्नांक फाव ती जाप दितालो.

"बाबा, हांगा झाडां नात कित्याक ?"

"पयलीं आसलीं. आतां घरां बांदपाक जाय म्हूण तीं मारून उडयलीं."

बाबाली जाप आयकून वसंताक दिसलें - झाडां मारनासतना घरां बांदल्यार चड बरें जातलें आशिल्लें.

"हांगा सवर्णी दिश्टी पडनात शीं ?"

"नात हांगा."

"कित्याक ?"

बाबान सांगलें - "सवणीं झाडांचेर रावतात न्ही रे ? झाडां नात म्हूण सवणीं नात."

"देखूनच तांणी झाडां दवरून घरां बांदपाक जाय आसलीं, न्ही बाबा ?"

बसंतालीं उतरां आयकून बाबा तोखणायेन हांसलो.

"बाबा, हे लोक बेगबेगीन खंय वतात अशे ?" लोकांली ताकतीक पळोवन वसंतान विचारलें.

"तांकां कामां आसात."

"अशें ?"

म्हणटासर वसंतान एक हॉटेल पळयलें. भितर खूब लोक बशिल्ले. कोण च्या पियेताले. कोण खाण खाताले.

"आनी ह्या लोकांक काम ना ?" त्या लोकांक बोट दाखोवन वसंतान विचारलें.

"आसा. पूण तांकां आतां भूक लागल्या म्हूण ते हांगा हॉटेलांत आयल्यात."

इतल्यान वसंताक याद जाली, आपणाकूय भूक लागल्या म्हूण.

"बाबा, म्हाकाय भूक लागल्या."

बाबान म्हळें, "बरें. चलून चलून तुका पुरो जालां आनी भुकय लागल्या. आतां बऱ्याशा हॉटेलांत या - मागीर तुका जाय तें खा."

वसंताक घेवन बाबा एका बऱ्याशा, चड खेट ना अशा हॉटेलांत गेलो. दोगूय एका मेजाकडेन बसले.

वेटरान येवन विचारलें, "पात्रांव, कितें हाडूं तुमकां ?"

"वसंत, तूं कितें खातलो तें सांग." बाबान वसंताक पयलीं सांगलें आनी वेटराक विचारलें, "हुनहुनीत कितें आसा ?"

"कटलेट, आमलेट, तंदुरी, मोगलाय चिकन, मटन आनी बिरयानी - ते भायर नुसतें - पापलेट, रांवशी, चणक, मुड्डशी."

वसंतान म्हळें, "एक आमलेट, एक पापलेट."

बाबान म्हळें, "म्हाका शीतकडी पुरो."

वेटरान रांदचे कुडिच्या जनेलाकडेन वचून ऑर्डर फर्मायली -

"एक आमलेट, एक पापलेट."

रांदप्यान एक पापलेट घेतली. निवळ केली. तीख, मीठ लायलें आनी कायलींत सोडली - मागीर कांदो, मिरसांग शिनली, मिठाकणी उडयली आनी तांतूंत दोन मोटीं तांतयां फोडून घालीं. बरीं घोटलीं आनी तव्यार घालीं. जाली आमलेट.

हेवटेन कायलींतली पापलेट तळून बरी चरचरीत जाली. रांदप्यान दोन पिरी घेतल्यो. एके पिरींत आमलेट घाली दुसरेंत घाली, पापलेट.

वेटरान येवन विचारलें,

"एक आमलेट, एक पापलेट रेडी ?"

रांदप्यान सडसडीत पिरी फुडें धुकळून म्हळें, "रेडी. एक आमलेट, एक पापलेट."

वेटरान पिरी उबारल्यो. शीत कडी व्हरून बाबा मुखार दवरली. आनी उरिल्यो दोनूय पिरी वसंता मुखार दवरून म्हळें,

"एक आमलेट, एक पापलेट."

वसंतान येवजिलें. पयलीं कितें खावंया ? पयलीं आमलेट काय पयलीं पापलेट ?

बाबान म्हळें "पळयता कितें ? खा बेगीन."

म्हत्यांतली आमलेट वसंतान पयलीं ओडली. बरोऽ वास आयलो. हळडुवे आमलेटीक तांबडे फोड आयिल्ले. आनी कांदो

तव्याक लागून करपल्ल्यान ताच्या घमघमीत वासान जिबे पो
हुळहुळटालें. वसंतान आमलेट रुचीन खाली.

मागीर पाप्लेट घेतली. आई नुसतें तव्यार तळटा. ही पापले
कायलींत तळिल्ली. वेगळीच कशी दिसताली. वसंतान कशी लाग
काय म्हूण दुबावानच एक कुडको तोंडांत उडयलो. आऽ, कित
बरी ! रुचीक ! सुवादीक ! वसंतान पापलेट तोंडांत घोळय
घोळयत आवडीन खाली.

बाबान दुडू फारीक केले.

आनी बाबाचें बोट धरून वसंत सवकसायेन घरा परतलो.

रातीकडेन न्हिदलो.

आड पडिल्लो मात - ताणें आयकलें, पोटांत आमलेट आ
पापलेट दोगांय झगडटालीं.

आमलेट म्हणटाली - "हांव रुचीक".

पापलेट म्हणटाली - "हांव सुवादीक".

वसंताक अजाप जालें. म्हणसर - आमलेटीन म्हळें, "ह
लोकांक घटमूट करतां. म्हाका सत्त्वां चड."

पापलेटीन म्हळें, "ऊं ? सत्त्व चड म्हाका, एक पापले
खाल्यार मूठभर मांस चडटा."

वसंत आयकुपाक बाद जालो. ताका दिसलें. शी ! अशें झग

बरें न्ही. इतल्यान आमलेटीन म्हळें, - "हांव वसंताक चड आवडटां म्हूण ताणें म्हाका पयलीं खाली."

"ऊं ? बाय तूं ! हांव चड रुचीक म्हूण ताणें मुजरत म्हाका मागीरेक दवरली."

वसंत तांचेर धेंगसो घालपाचें चिंततालो. इतल्यान आमलेटीकूच शाणेपण येवजलें. तिणें म्हळें,

"आमी अशें झगडचेपरस वसंताकच विचारल्यार कशें ?"

पापलेटीकूय ही सुचोवणी मानवली. दोगांनी वसंताक उलो मारून विचारलें - "वसंत वसंत, आतां तूंच सांग. आमचे मदीं चड रुचीक कोण ? सत्त्वां कोणांत चड ? आनी तुका चड मानवता ती कोण ?"

वसंतान येवजिलें - ह्या प्रस्नांक आईबगर कोण बरी जाप दितलो ?

"मातशीं वगी रावात आं ! हांव आतां आईकच विचारतां." वसंत आई म्हऱ्यांत गेलो.

"आई, आई - एक सांग - आमलेट चड रुचीक काय पापलेट चड रुचीक ?"

"दोनूय रुचीकच." आईन जाप दिली.

"आनीक सांग- आमलेटींत सत्त्व चड काय पापलेटींत

चड ?"

"दोनींतय सत्त्वां आसात. आमलेट जिवाक बरी आनी पापलेटूय बलायकेक बरी."

"आनी आई, म्हाका चड कोण मानवता ? आमलेट काय पापलेट ?"

"आरे पिशा ! तुका कितें आवडटा तें हांव कितें सांगूं ? तुवें खावन पळयलां. तूं सांग मरे !"

वसंताक सट्ट जालें "म्हाका दोनूय सारकींच बरीं लागिल्लीं."

वसंत पर्थून वचून हांतुणार आड पडलो. ते बराबर आमलेटीन आनी पापलेटीन एका बराबर बोवाळ केलो - "सांग, सांग, बेगीन सांग, चड बरी कोण सांग -"

वसंतान दोगांकूय पयलीं थातारलीं. आनी मागीर फर्मायलें - "आमलेट आनी पापलेट - दोनूय सारकींच रुचीक - दोनींतूय सत्त्वां आसात - दोनूय म्हाका सारकींच बरीं लागतात. आतां तुमगेलीं झगडीं बंद करात. म्हाका पुरो जालां आनी पोट भरिल्ल्यान न्हीद येता. आतां हांव न्हिदतां. बोवाळ बंद !"

वसंताली धपकावणी आयकून आमलेट आनी पापलेट दोगीय तोंडां धांपून जिरवणेचे वाटेक लागलीं.

✡ ✡ ✡

:6: विनीलो कीर

एक आसलें बाय. ताचें नांव विनी. विनिल्या पापान एक कीर पोशिल्लो. तो सगळें उलयतालो.

विनीक कीर आवडटालो. किराक विनी आवडटालें. विनी किराक खबरो सांगतालें. कीर विनीक खबरो सांगतालो. विनी किराक पदां शिकयतालें. कीर दिस्त तश्शीं म्हणून दाखयतालो.

पपा किराखातीर पेरां हाडटालो. चणे हाडटालो. ममीकूय कीर आवडटालो. पिकिल्ल्यो मिरसांगो किराक आवडटात म्हूण ती मुजरत पिकिल्ल्यो मिरसांगो कुशीक दवरून किराक घालताली.

कीर पांजऱ्यांत रावतालो. थंयच खातालो. थंयच न्हिदतालो. आठ दिसांतल्यान एक दीस पपा पांजरो भायर व्हरतालो. आनी कळशांनी उदक पांजऱ्याचेर ओतून किराक न्हाणयतालो.

एक दीस विनीन पपाक म्हळें - पपा, हांव पांजऱ्याचें दार उकतें करूं ? किराक खांदार बसोवन हांव पासयेक व्हरतां."

पपान विनीचेर धेंगसो घालून म्हळें, "ना विनी. किराक भायर काडल्यान कीर पळून वतलो. परतून येवचो ना. तेन्ना दार उकतें करचें ना. तुवें दार उकतें केलें आनी कीर पळून गेलो ज़ाल्यार हांव तुका मार दितलों आं !"

विनीन मागीर केन्नाच किराक पांजऱ्यांतल्यान भायर काडपाची खबर काडली ना. पूण एक दीस कितें जालें ?

विनी आनी कीर खबरो मारतालीं. उलयतां उलयतां विनीन किराक विचारलें, "किरा, किरा, तुका ममी पपा ना ?"

"आसा." किरान म्हळें, "ममी आसा, पपा आसा; तेभायर दोन भाव आनी तीन भयणी आसात."

"खंय आसात ?" विनीन विचारलें.

"पयस रानांत !" किरान सांगलें.

"तुका तांची याद येना ?"

घरच्या उगडासान किराच्या दोळ्यांत उदक आयलें. ते दीस येवजून आयले. तेन्ना कीर रानांत उकत्यार भोंवतालो. उडटालो, उडटां उडटां गायतालो, गायतां गायतां खेळटालो. आनी एक दीस, पारध्यान ताका धरून व्हेल्लो.

किराल्या दोळ्यांत उदक पळोवन विनीक अजाप जालें -

"किरा, किरा, तुका रडूं येता ?"

"हय विनी, म्हाका घरची याद आयली. ममीची, पपाची
ानी भावंडांची."

"तशें जाल्यार तूं वचून खबर घेवन कित्याक येना?"
ीनीन सादेपणान विचारलें.

"कसो वचूं ? हांव तर असो बंद - पांजऱ्यांत." आनी
ार हुसकारलो.

विनीच्या मनांत आयलें - दार उकतें करून किराक सांगचें,
चून यो म्हूण घरा. पूण मागीर पपाची याद जावन तें वग्गी
ावलें.

किरानच विचारलें; "बाय विनी, एक काम करशी ?"

"कितें ?"

"तूं पांजऱ्याचें दार उकतें कर. हांव घरा वतां. घरच्यांक
गळ्यांक मेळटां आनी रोखडोच परतो येतां."

"पूण पपा म्हाका मारतलो." विनीन खरें तें सांगून उडयलें.

"जावं गो ! अशें कर. सकाळीं पपा ऑफिसांत वतकीर तूं
र उकतें कर. हांव वतां आनी पपा सांजचो परतुचे पयलीं परतो
तां. मागीर तूं दार बंद कर. कोणाकच कळचें ना. प्लीज, विनी."

विनीक ही येवजण मानवली.

"पळय तूं परतो येतलो मरे बेगीन ? नाजाल्यार -"

"म्हज्या शाण्या विनी, हांव तुका फटवंचो ना. उतराभायर वचचों ना. म्हजेर तुजो विस्वास ना ?

आनी विनीन किराचेर विस्वास दवरलो.

सकाळीं पपा ऑफिसाक वचनाफुडें विनीन पांजऱ्याचें दार उकतें केलें. आनी कीर दारांतसून भायर आयलो.

"रोखडोच येतां, विनी" अशें सांगून उडलो.

उडलो तो उडत उडत रानांत गेलो. घर सोदीत सोदीत भोंवलो. खूब वेळान ताका पेरी झाडाचेर बशिल्लो एक कीर दिश्टी पडलो. बगलेक वचून पळय जाल्यार ताचोच भाव. एकामेकांक पळोवन दोगूय खोशी जाले. खोशेन उडले अनी घरा आयले. आवयक, बापायक आनी भावंडांक मेळून कीर खुशालभरीत जालो.

पोटभर जेवन पोटभर खबरो मारल्यो. उलयतां उलयतां बरोच वेळ सरलो. मदींच कीर उठलो.

"बरें तर, हांव आतां वतां."

"खंय ?" सगळ्यांनी अजापून विचारलें.

“परतो पांजऱ्यांत. ” किरान म्हळें.

“पिसो मरे तूं ! काय बरो सुटून आयला. आतां परतून ते
ःखणींत वचूंक सोदता ?”

किरान तकली हालयली.

“हय, हांव गेलों ना जाल्यार त्या बायक ख्यास्त जातली.
गेलो पपा ताका मारतलो. म्हाका वचुंकच जाय.”

अशें सांगून कीर उडलो. बेगीन पावपाक जाय म्हूण पांखां
चडीत नेटान येवपाक लागलो.

हेवटेन विनी परतून परतून भायर येवन पळयतालें. ममीची
ःर थंय वचची न्ही म्हूण तेळटालें. पिकी मिरसांग घेवन ममी
ायर येताली तेन्ना विनीन बेगबेगीन ती मिरसांग आपूण घालतां
ण काडून घेतिल्ली. आनी आतां पपा येवपाचो जालो तरी कीर
तें पळोवन विनी रडकुरें परतल्लें.

म्हणटा म्हणसर पपा आयलो. येतना ताणें बरींऽ पेरां
डिल्लीं. आयलो तोच पांजऱ्याकडेन गेलो.

“आरेच्या ! कीर खंय ? दार कोणे उकतें उडयलें ?”
ान बोवाळ केलो.

ममी बेगबेगीन भायर आयली. पळय जाल्यार दार उकतें
नी कीर घूल.

"विनी ? विनी खंय गेलें ?"

विनी बावडें भितर रडूंक बशिल्लें. ममीक रोखडेंच कळ्ळें. तिणें पपाक सांगलें. "बायेक तापय नाका आं. ताणेंच किराक सोडलो शें दिसता."

पपाक राग आयलो. पूण रडटल्या विनीक ताणें तापयलें ना. मारलें ना.

ममीन विनीक म्हऱ्यांत घेतलें आनी तिणें विचारना फुडें
ोन सगळी खबर गडगडीत सांगली.

खबर आयकून ममीन म्हळें, “आगो पिशा ! एक फावट
न गेल्लो कीर म्हूण परतो येता ? पपान तुका पयलींच
गेल्लें - ”

“ना, ममी. तो येतलोच”. विनीन अशें म्हणपाक आनी
शन साद घालपाक एक जालें,

“वि ऽ नी ऽ ! हांव आ ऽ यलों.”

सगळीं भायर आयलीं. पळय जाल्यार खरेपणीं कीर आयिल्लो
नी पांजऱ्यांत बशिल्लो.

अशें कशें जालें ? सांगूं ?

विनीक कीर आवडटा. किराक विनी आवडटा देखून.

आतां विनी किराक सद्दां भायर काडटा आनी खांदार
ोवन पासयेक व्हरता.

✡ ✡ ✡

: 7 : नाल्लाक नसाय काळंगाची

शाळेंत निबंद बरोवपाक सांगिल्लो. आईक, बाबाक विचारीत बाबून निबंद बरयलो. कल्पतरू ! म्हळ्यार माड. माड आमकां सगळें दिता. खोंपीक चुडटां, घराक वांशे, जळवाक शेवकां-पोंयो आनी खावपाक नाल्ल.

नाल्ल बाबूक चड आवडटा. तो खावपाक बरो लागता म्हूण न्ही. तर नाल्लाचें उदक ताका चड बरें लागता म्हूण. घरांत नाल्ल फोडलो रे फोडलो, बाबू पेलो घेवन थंय पावलोच म्हूण समजुचें.

बाबून निबंद बरयलो आनी राती कडेन आईक वाचून दाखयलो. माडाचेर निबंद बरयिल्लो - पूण तोखणाय चड नाल्लाची केल्ली.

कोनशाक रावन नाल्ल आयकतालो. आनी सोण्णांतल्या सोण्णांत मुरखो हांसतालो. बाबूलो निबंद वाचून जालो तसो नाल्ल गर्वान ्गलो. आपणांयेदो व्हड कोण ना अशें येवजून तायट बसलो.

रातीकडेन घरांतलीं सगळीं न्हिदतकीर सदांभशेन. फळावळिच्यो जाली सुरू जाल्यो. कुरपण्यांतलीं सफरचंदां, फळये वयलीं नरांजां, जनेलांतली पोपाय आनी रांदनी पोल्लांत दवरिल्लो दुदी ांच्यो गजाली.

लारांजान म्हळें, "पोपाये, तूं हरशीं बरीऽ पिकल्या. बाबून आज तुका खायनासतना दवरली बरी !".

"तो आज कित्तें बरोवपाचे तनरेंत आशिल्ल्यान विसरलो." ोपायेन म्हळें. "पूण फाल्यां सोडपार ना तो म्हाका."

"नेम ना पोपाये, नेम ना." सफरचंदान म्हळें, "तूं जाणा? यर पिकून फुटपाकडेन पाविल्लें अनस आसलें हांगा. जाल्यार देस्त कोणेतरी हांकां काळींग धाडलें. आनी हांणी पापयांनी काळींग खावन अनस कुसयलें न्ही ?"

"हय व्हय. काळंगाक लागून ह्या दिसांनी हेर फळावळीक कोणच लेखना अशें जालां" दुदयान म्हळें, "म्हजी शाक केन्ना जाता पळोवंया आतां."

"नाल्ल आज वग्गीसो ?" कोणेतरी नाल्लाची वासपूस केली.

नाल्ल झेतान बशिल्लो. ताका दिशिल्लें, बाबूलो निबंद आयकून सगळीं फळां आपणाल्योच खबरो करतलीं म्हूण. आतां काळंगाच्यो खबरो आयकून नाल्लाक राग आयिल्लो.

“उलय मरे !” लारांजान ताका धोंगशिलो.

“तुमी मार त्या काळंगाची व्हडवीक गायतात न्ही ! गायात त्या काळंगाची व्हडवीक !” नाल्लान बोंचो वांकडो करून म्हळें.

“जावं रे ! आपणापरीन काळींग व्हडच. आनी हे दिसच काळंगाचे जाल्ल्यान काळंगाची खबर आयली.” सफरचंदान सादेपणान म्हळें.

“जण एकलो आपणापरीन व्हडच आसता.” दुदयान म्हळें.

पूण नाल्ल बदलो ना. सोण फुलोवन बसलो.

लारांजाक मात नाल्लाक नसाय जाल्या म्हणपाचें कळ्ळें. ताणें ताका तोंडार विचारलें,

“नाल्ला, नाल्ला, काळंगाची खबर काडल्यार तुज्या पोटांत कित्याक दुखता ? काय तुज्या पोटार पांय दवरला काळंगान?”

नाल्ल रागान आरतो परतो गडगडलो. तीनूय दोळे गिरी गिरी घुंवडायत आड्डलो, “तें कुस्कुटा मोलाचें काळींग म्हज्या पोटार कितें पांय दितलें ? म्हज्या किसराची सर ना ताका .... ताकाच

न्ही, तुमकां कोणाकच ना. देखूनच येदोवेळ हांव तुमचेकडेन उलयनासतना वग्गी बशिल्लों."

नाल्लान हेरांक हिणसायलें तें सगळ्यांक वायट दिसलें आनी रागूय आयलो.

तरिकूय तिडकनासतना पोपायेन म्हळें, "जावं रे ! आमी तुजे इतलीं व्हड न्ही .... पूण काळींग तें काळींग. हे दीसच तागेले. ताका कित्याक उणें लेखता ?"

तें आयकून नाल्ल टुण्ण करून उसळ्ळो.

"कोण सांगता काळींग बरें म्हूण ? येदोळ बाबून आवयक वाचून दाखयलें तेन्ना तुमी खंय आसलीं ? बाबूक विचारात नाल्ल म्हळ्यार कितें तें !"

आतां सगळ्यांच्या बोडांत उजवाड पडलो. तरीच हो असो गर्वान फुगला - बाबून बरयलां तें आयकून !

"राव रे ! पूण तातूंत बाबून काळींग बरें न्ही अशें खंयच म्हणूंक ना." दुदयान दुबाव उकतायलो.

"काळंगाक तो लेखच ना" नाल्लान सोण फुलयत म्हळें, "तुमी सगळें आयकलांच. सांगात पळोवंया – बाबून बरयल्यात त्या गुणांतलो एकतरी गूण आसा त्या काळंगाच्या आंगांत ?"

नाल्ला बडायो आयकून सफरचंद फुरफुरलें. सफरचंद हरशीं थंड आनी सादें. पूण ताका लेगीत तिडक मारली. ताणें विचारलें -

"सांग पळोवंया, अशे कसले गूण तुज्या आंगांत आसात, जे काळंगाकडेन नात?"

"म्हजी कातली गोड." नाल्ल गुरगुरलो.

"आवंय ! तेपरस काळींग हजार वांटयांनी गोड. विचार कोणाकूय." सफरचंदान सडसडीत तोंडार मारनाफुडें सगळ्या फळांनी ताळ्यो मारल्यो.

"म्हज्या उदकान तानूय भागता." नाल्लान झेतान म्हळें.

"पिसो रे पिसो ! आरे फळांनो-" सफरचंदान हेर फळांक पळोवन विचारलें, "हांव तुमकां एक उमाणें घालतां. सांगात पळोवंया. – तान न्हिवयता, भूक भागयता - कोण ?"

सगळ्यांनी एका बराबर जाप दिली - " काळींग ! "

"पळयलें ? काळींग हें एकच अशें फळ जें तानूय न्हिवयता आनी भूकय भागयता."

नाल्ल मातसो मोव पडलो. पूण अजून तागेलो गर्व निवळूंक नासलो. ताणें म्हळें, "म्हजो उपेग जेवणांत जाता."

सफरचंदाक कांय येवजना जालें. इतल्यान दुदयान तोंड घालें. - "आरे, पूण काळींग खाल्यार पोट भरता जाल्यार तुगेलें जेवण जेवतलो कोण ?"

दुदयाली जाप आयकून सगळ्यांनी खोशयेन ताळयो पेटल्यो. नाल्लाली बडाय मातशी जिरली.

तरिकूय नेट करून ताणें म्हळें, “काळंगाच्यो साली भायर पडटात. म्हजीं सोण्णां आनी कट्ट्यो उज्याक उपकरतात.”



"कोण सांगता काळंगाच्यो साली भायर पडटात म्हूण. गोठ्यांत वचून पळय. गोरवां रुचीन खातात. आनी दुकरांक जाय म्हूण शेजान्नलेगीत येवन मागून व्हरता."

नाल्ल आतां शेंवटलो - "एक एक काळींग पचकें आसता."

सफरचंदान सडसडीत जाप दिली, "एक एक नाल्ल कुसको आसता."

नाल्लाक आतां उतर फुटना जालें. तरिकूय नेट करून ताणें म्हळें, "म्हजेकडेन उलोवं नाकात तुमी. वेंग मारून बसात त्या काळंगाक." आनी रागान फणफणत सोण तांबडें करून वग्गी बसलो.

आनीक कितें सांगूं ?

दुसऱ्या दिसा खऱ्यांनीच बाबान व्हडलें काळींग हाडलें. फोडून पळयत जाल्यार तांबडें गुंज. रवाळ आनी सुरबूस. रोसाळ आनी म्होंवाळ. एक शीर खायना फुडें आनीक खायन खायन दिसपाचें.

बाबून पांच शिरो खाल्यो. बाबान स शिरो खाल्यो. आईन काम करतां करतां चार शिरो सोंपयल्यो.

तोंडाच्याक वांटपाखातीर आईन नाल्ल फोडलो आनी बाबूक उलो मारलो.

"बाबू, उदक जाय ?"

"नाका, आई. काळंगानच पोट भरलें."

तें आयकून आईन उदक भायर उडयलें. ते बराबर सगळीं फळां हांसलीं.

"आई, आज आमी जेवंया नाका गे ! पोट भरलां म्हजें." बाबून म्हळें.

तें आयकून बाबानूय म्हळें, "शीत कडी केल्या ती पुरो. तोंडाक बी कांयच घेवन बसूं नाका. पोट भरिल्लेंच आसा."

तें आयकून आईन फोडिल्ल्या नाल्लाचीं दोनूय वळीं काडून परतून कोनशाक दवरलीं.

दोनूय वळीं आं करून पडलीं.

नाल्लाची ती दशा पळोवन सगळीं फळां हांस हांस हांसलीं.

✡ ✡ ✡

ऽ ऽऽऽऽऽऽ

ऽ ऽऽऽऽऽऽ